# स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्याचो कार्यक्रम

ता. 12 ऑगस्ट 2025

राज्यांत भारतीय स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्याची तयारी नेटान चालू आसून राज्य पांवड्यावयलो स्वातंत्र्य दीस सुवाळो 15 ऑगस्ट 2025 दिसा सकाळी 9.15 वरांचेर पणजे पोरण्या सचिवालयामुखार जातलो. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत सुवाळ्यात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन संचलनाची पळोवणी करतले आनी मानवंदना दितले. उपरांत गोंयच्या जनतेक उद्देशून भाशण करतले.

भारतीय स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्याक मंत्रीमंडळातले वांगडी, विरोधी फुडारी, खासदार, आमदार, उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश, एडव्होकेट जनरल, स्वातंत्र्य सैनिक, नागरीक आनी विद्यार्थी हजर रावतले.

तशेंच तालुका पांवड्याचेर साबार कडेन स्वातंत्र्य दीस सुवाळो जातलो. म्हापशें हांगा पर्यटनमंत्री श्री. रोहन खंवटे, दिवचल हांगा आमदार श्री. चंद्रकांत शेट्ये, फोंडा हांगा शेतकी मंत्री श्री. रवी नाईक, काणकोण हांगा वीज मंत्री श्री. सुदिन ढवळीकर, चिकली हांगा येरादारी मंत्री श्री. मॉविन गुदिन्हो, मडगांव हांगा आमदार श्री. दिगंबर कामत, पेडणे हांगा नुस्तेमारी मंत्री श्री. निळकंठ हळर्णकर, वाळपय हांगा आमदार श्रीमती देविया राणे, केपे हांगा समाज कल्याणमंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय, धारबांदोडा हांगा आमदार श्री. गणेश गांवकार, सांगे हांगा उदकास्त्रोत मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकार हे राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले.

स्वातंत्र्य दिसानिमतान पत्रादेवी हांगा जावपी कार्यक्रमात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, स्वातंत्र्य सैनिक आनी हेर मानेस्त हुतात्मा स्मारकाक पुष्पांजली ओपतले.

मजगती देशांत "हर घर तिरंगा" मोहिम चालू आसून मोहिमेचो तिसरो टप्पो 13 ते 15 ऑगस्ट मेरेन चलतलो. आझादी का अमृत महोत्सवा निमतान सुरू जाल्ल्या "हर घर तिरंगा" मोहिमेत लोकांनी तशेंच संस्थां आनी आस्थापनांनी सहभागी जावन राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवचो. ह्या मोहिमेतल्यान लोकांच्या काळजात देशभक्तीची भावना जागी जाता आनी राष्ट्रीय बावट्या विशीं आदर निर्माण जाता. नागरिकांनी तिरंग्यासयत सेल्फी घेवन https://harghartiranga.com/selfie. ह्या वेबसायटीचेर अपलोड करची.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/680

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.